# Pradeshik Samachar

## 07.05.2025 @ 7.20 pm

- काल राती १.०५ ते १.३० या वेळार ऑपरेशन सिंदूर राबयले आणि तातून णव दहशतवादी सुवातींक लक्ष्य केले.
- operation सिंधुर वरवी भारतान पाकीस्तानाक चोख उत्तर दीला,हे खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेंच नौदळ,लश्कर,हवाई दळाची मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी तुस्त केल्या
- आयज मडगावच्या कोकण रेल्वे स्थानकाचेर मॉक ड्रिल प्रात्यक्षिका जाली
- 24th IPCA world chess championship गोयात 21-31 july ह्या काळात पणजेत जातली

<u>सिंदूर 165</u>

काल राती १.०५ ते १.३० या वेळार ऑपरेशन सिंदूर राबयले आणि तातून णव दहशतवादी सुवातींक लक्ष्य केले. आज नवी दिल्लीत जाल्या या कारवाईची माहिती दितना, भारतीय लष्कराची कर्नल सोफिया कुरेशी हाणी सांगले की आणि भारतीय हवाई दलाची विंग कमांडर व्योमिका सिंग हाणी सांगले की पहलगाम दहशतवादी हल्ल्यातल्या पीडितांक न्याय दिवपाक ऑपरेशन सिंदूर सुरू केले अशे तणी म्हळे.ताणी सांगले की, फाटल्या तीन दसकांपासून पाकिस्तान दहशतवादी मुळाव्यो सुविधा निर्माण करता जातुन भरती, शिकवण केंद्रा, प्रशिक्षण क्षेत्रा आणि लाँच पॅड आसपावतात जे पाकिस्तान आणि पाकव्याप्त जम्मू आणि काश्मीरात पसरलेले आसात. त्यांनी या कारवाईची माहिती दिली, जातुन नष्ट केल्यो दहशतवादी सुवातोआणि लष्करी आणि नागरी प्रतिष्ठानांक लक्ष्य न करता ही कारवाय यशस्वीरित्या कशी जाली हाचो तपशील आसा. परराष्ट्र सचिव विक्रम मिस्री हाणी म्हणले की, पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याच्या चौकशीतल्यान पाकिस्तानचे दहशतवाद्यां कडे आसलेले संबध उघडे जाल्यात. ताणी म्हणले की, दहशतवादी कारवायांचेर लक्ष दवरपी भारताच्या गुप्तचर संस्थांनी अशे संकेत दिल्यात की भारताचेर आनीक काय हल्ले जावुक शकतात आणि ते थांबोवप आणि तायो फुडो करप गरजेचे अशे मिस्री हाणी म्हणले

रश्मि 70

operation सिंधुर वरवी भारतान पाकीस्तानाक चोख उत्तर दीला,हे खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेंच नौदळ,लश्कर,हवाई दळाची मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी तुस्त केल्या.2000-2024 मेरेन पाकीस्तानान वेगवगळया आकांतवादी हल्ल्यातल्यान भारताच्या सुमार 340 नागरीकांचे जीव गेल्यात.पाकीस्तानाचेर कारवाय हीच खरी चोख जाप अशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

आयज जावपी नागरी सरंक्षण mock drill भारतातल्या 244 जील्ह्यात गोंयच्या दोन्हुय जिल्हाचे आसपाव आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री सावंत हांणी दील्या. आयज मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत पर्वरे  मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.

रश्मि  60

अटल आसरा येवजणेवरवी अडकुन उरील्ली सुमार 6 हजारापैकी 2 हजार अर्जांचो विल्हो  मे म्हयन्याभीतर लायतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.हे खातीर 12-20 मे ह्या काळात केपे,काणकोण,सांगे,दीवचल,साखळी,सावर्डे तशेंच पर्ये मतदारसंघान खासा शिबीरां घेतले अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दील्या.अटल आसरा येवजणेवरवी नवे घर बांधपाक 3 लाख जाल्यार घरांची दुरूस्ती 1.50 लाख रूपया दीतले अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री सुभाश हांणी दील्या.

सुशांत 40

फुडल्या काळांत आणीबाणीची परिस्थिती तयार जाली तर तिका फूडो करपाक सज्ज जावचे हे खातीर देशभरांत मॉक ड्रिल घडोवन हाडल्या. दक्षिण गोंयच्या दाबोली विमानतळ, वास्कोच्या आयओसी आगर आणि मडगांवच्या रेल्वे स्टेशनाचेर हे निमतान आपत्कालीन  प्रात्यक्षिका जातली अशे  दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हांणी माहिती दिली.

सुशांत 60

आयज मडगावच्या कोकण रेल्वे स्थानकाचेर मॉक ड्रिल प्रात्यक्षिकात वेगवेगळया वट्ट ७९ विभागांनी आनी एजन्सीनी वांटो घेतिल्लो आयज सांजवेळा ४ वराच्या सुमारास ही

प्रात्यक्षिका जाली. ह्या प्रात्यक्षिकात पोलीस, उजो पालोवपी दळ, भलायकी कर्मचारी, एनएसएस आनी एनसीसीचे विद्यार्थी तसेच हेर एजन्सींचो आस्पाव आसलो. दनपरा ४ वरांच्या सुमारास रेल्वे स्थानकाचेर सायरन वाजल्याउपरांत ही प्रात्यक्षिका जाली अशी म्हायती दक्षिण गोंयचे उपजिल्होधिकारी गणेश बर्वे हांणी दिली.

महेश 40

प्रसार भारती म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान WAVES OTT प्लॅटफॉर्माचेर पत्रकार परिशद घडवन हाडल्या.हे कार्यावळीक सुनील भाटिया, डीडीजी आकाशवाणी पणजी, आनी हेर अधिकारी आसतले.संचालक शशिन राय, आणि नाना मेश्राम संचालक (एम अँड सी) पीआयबी हांणी प्रिंट/इलॅक्ट्रॉनीक/डिजिटल मिडियाचे संपादक/ब्युरो मुखेल रिपोर्टर/कॅमेरापर्सन/फोटोग्राफर ह्या म्हत्वाच्या पत्रकार परिशदेक आमंत्रित केल्यात

सुशांत 80

गोंय तियात्र अकादमीचे नवे वांगडी सचिव म्हूण डॉ. कार्लूस फर्नांडिस हांची नियुक्ती केल्या. फाटल्या सोमारा म्हळयार ५ मे दिसा तांणी आपल्या पदाचो ताबो घेतलो अशी म्हायती गाेवा तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी दिली. ह्या आदी फाटली चार वर्सां सुरेश दिवकार हे गोंय तियात्र अकादमीचे वांगडी सचिव आशिल्ले.

डॉ. फर्नांडिस हांणी गोय सरकारात वेगवेगळ्या विभागांनी काम केल्या. गाेंय सरकारच्या सेंट्रल लायब्ररीचे २००६ सावन ते क्युरेटर आशिल्ले. गाेंयच्या तियात्र मळार तांणी काम केल आनी ह्या मळार तांणी संशोधनही केला अशें बार्बोझा हांणी सांगलें.

रश्मि 90

The chess federation for physically disabled वतीनृ 24th IPCA world chess championship गोयात 21-31 july ह्या काळात पणजे दोनापावला international center goa हांगा जातली.भारतात 20 वर्सा उपरांत ही वस्तादपण सरत जाता.ह्या सर्तीत 20 परस चड देशाचे100 खेळगडी वाटो घेतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. हांतुन रशीया,इस्तायल,पोलाण्ड,काझाकीस्तान ,युक्रेन तशेंच हेर देशांच्या खूळगड्यांचो आसपाव आसा. 50% वा ताचेवयर दीव्यांग आशील्ल्या मनशांक ह्या सर्तीत वाटो घेवपाक मेळटलो.